# प्रगती मैदानावर गोंय पव्हिलीयनाचे उक्तावण

ता. 14 नाव्हेंबर 2017
23 कार्तिक 1939

नवी दिल्लीच्या प्रगती मैदानाचे भारतीय आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यात उबारिल्ल्या गोंय पव्हिलीयनाचे उक्तावण म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे  संचालक श्री. टी. एस. सावंत हांचे हस्तूकीं आयज जाले. स्टार्ट अप इंडिया, स्टॅण्ड अप इंडिया, अशी वेपार मेळाव्याची संकल्पना आसा.

मे. विन्सन ग्राफीक्स एजन्सीन 150 चौकण मिटर जागेत गोंयच्या दालनाची आकर्शक उबारणी केल्या. प्रत्येक वर्सा गोंय राज्य ह्या मेळाव्यात सहभागी जावन गोंयचे पर्यटन, उद्देग, संस्कृती, सरबराय, गुंतवणूक आनी हेर विकास प्रकल्पांचे प्रदर्शन मांडटा.

ह्या मेळाव्यात माहिती आनी प्रसिध्दी खात्यासयत पर्यटन खाते, हस्तकला, लघू उद्देग, माहिती तंत्रज्ञान आनी गोंय पर्यटन विकास महामंडळ सहभागी जाला.

गोयच्या दालनात गोंयान पर्यटन, उद्देग, म्हायती तंत्रज्ञान आनी हेर मळार केल्ल्या प्रगतीची, म्हायती छायाचित्रासयत मांडल्या. तशेंच दालनाक भेट दिवप्यांक म्हायती पुस्तीका उपलब्ध केल्या.

हस्तकला महामंडळाकडेन नोंदणी आशिल्ल्या कारागिरानीय आपल्यो वस्तूं प्रदर्शन आनी विक्रीखातीर दवरल्या. म्हार्दोळचो सिध्दी विनायक कला संघ पारंपारिक गोंयचे सांस्कृतीक कार्यक्रम मेळाव्यात सादर करतलो. हो मेळावो 27 नोव्हेंबर मेरेन चलतलो.

उक्तावण कार्यक्रमाक म्हायती अधिकारी श्री. प्रकाश नाईक, पर्यटन विकास महामंडळाचे पीआरओ श्री. दिपक नार्वेकर, डीआयटीसीचे कार्यकारी वेवस्थापक श्री. प्रकाश कामत, जीआयडीसीचे उपसरवेवस्थापक श्री. नंदा शिरोडकर, विन्सन ग्राफीक्सचे श्री. ॲरोन फर्नांडिस, म्हायती खात्याचे श्याम गावकर, धनंजय केरकर, मनोहर डेगवेकर हजर आशिल्ले.